राष्ट्रीय खबरो

०५.०३.२०२६ @ ६.३० pm

भारत आनी फिनलँड हांणी नवी दिल्लींत पर्यावरण सहकार्य, स्थलांतर आनी गतिशीलता भागीदारी आनी सांख्यिकी ह्या सारक्या वेगवेगळ्या मळार जायत्या कबलातींची देवाणघेवाण केली. वेगवेगळ्या मळार द्विपक्षीय सहकार घटमूट करपा विशीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज फिनलँडचे राष्ट्राध्यक्ष अलेक्झांडर स्टब्स हांचे कडे उलोवणी केली. बहुपक्षीय मंचाचेर सहकार्या सयत परस्पर हितसंबंदीत प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर तांणी दृष्टिकोनांची देवाणघेवाण केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आपल्या संयुक्त निवेदनांत म्हणलां, आयज संवसार अस्थिरता आणि अनिश्चिततेच्या टप्प्यातल्यान वता. युक्रेन ते अस्तंत आशिया मेरेन संवसारांतल्या जायत्या वाठारांनी सतत संघर्श दिसून येता. अशा जागतीक वातावरणांत भारत आनी युरोप ह्यो दोन मुखेल राजनैतिक शक्ती, आपल्या संबंदांच्या भांगरायुगांत प्रवेश करपाक लागल्यात. भारत आनी युरोप हांचे मदीं वाडत आशिल्ल्या सहकाराक लागून संवसारीक स्थिरताय, उदरगत आनी सामायिक समृध्दी घटमूट जाता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

फकत लश्करी संघर्श खंयचोय प्रस्न सोडोवंक शकना अशें भारत आनी फिनलँडचे एकमत आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. युक्रेन आसूं वा अस्तंत आशिया आसूं, दोनूय देश संघर्श बेगीन सोंपवपाच्या यत्नांक आदार दितले अशें तांणी सांगलें. इतिहासीक भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलात 2026 वर्साचे सुरवेक जाल्लो अशें मोदी हांणी नदरेक हाडलें.ह्या कबलाती वरवीं भारत आनी फिनलँड हांचे मदलो वेपार, गुंतवणूक आनी तंत्रीक सहकार्य आनीक घटमूट जातलो अशें तांणी सांगलें.

स्टार्टअप आणि शिक्षणाच्या मळार केल्या क्बलातीविषीय मोदिनी सांगले

फिनलँडाचे राष्ट्राध्यक्ष अलेक्झांडर स्टब्स हाणी म्हणले प्रेझ फिनलंड

फिनलँडाचे राष्ट्राध्यक्ष काल भारताक चार दिसांच्या भोंवडेर नवी दिल्ली पावल्या.

संवसारांतल्या सगळ्यांत तरणाट्या आनी गतीशील कार्यबल अशिल्ली संवसारीक कुशळटाय राजधानी जावपाचे दिकेन देश स्थिरपणान वता अशें कुशळटाय विकास आनी उद्देजकत राज्यमंत्री जयंत चौधरी हांणी सांगलें. कुशळटाय उदरगत, वेवसायीक शिक्षण आनी कार्यबल गतिशीलतेमदि दोनूय देशां मदलो सहकार घटमूट करपाचे मार्ग सोदून काडपा खातीर नवी दिल्लींत फिनलँडचे रोजगार मंत्री मॅटियास मार्टिनेन हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतना तांणी हे सांगलें. देशाची लोकसंख्याशास्त्रीय तांक आनी फिनलँडाची तंत्रीक आनी वेवसायीक उत्कृश्टताय कुशळटाय क्षेत्रांत सैमीक भागीदारी निर्माण करता अशें चौधरी हांणी सांगलें.

भारताचे मुखेल न्यायाधीश सूर्यकांत हाणी भूतानाचे  राजा जिग्मे खेसर नामग्येल वांगचुक हांचीथिंफु हांगा भेट घेतली  आनी हिमालयीन राष्ट्रांतल्या न्यायालयीन प्रक्रियांचे तांत्रिक सहाय्य आणि डिजिटलाय झेशणा खातीर  व्यापक सहकार्य दिवपाक तयारी दाखयली. मुखेल न्यायाधीश सूर्यकांत हाणी राजा वांगचुक कडे संवाद सादलो आनी भारत आनी भूतान हांचे मदले द्विपक्षीय संबंद आनीक वाडोवपाचे आनी घटमूट करपाचे मार्गांचेर दोगांयनी विचारांची देवाणघेवाण केली अशें सर्वोच्च न्यायालयान सांगलें. वाडत्या  सायबर गुन्यांवां बद्दल आनी अशे गुन्यांव आडावपाचे आनी ताचेर खटलो चलोवपाचे संयुक्त यत्न हांचे विशीं तांणी भासाभास केली.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी नवी दिल्लींतल्या 26 तरणाट्या वैजकी वेवसायिकांक पुरस्कार भेटयले. देशांतल्या भलायकी सेवेचो फुडार घटमूट करपा खातीर तरणाट्या दोतोरांक तांच्या करिअराच्या सुरवातीच्या टप्प्यांत मान्यताय दिवप म्हत्वाचें अशें परिशदेत उलयतना सांगलें.

२०२६ च्या  ऑल इंग्लंड बॅडमिंटन चॅम्पियनशिपांत आयज बर्मिंगहॅमांत जावपी दादल्यांच्या एकोडी  सर्तींत आयुष शेट्टी आनी इंडोनेशियाच्या ए. फरहान आड खेळतलो.

कोंकण, गुजरात आनी दर्यादिग आंध्र प्रदेशात फाल्यां मेरेन उश्ण आनी दमट हवामान चालू उरतले अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. ह्या सप्तकांत वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी चडांत चड तापमान सामान्या परस चडांत चड 4 ते 6 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.